## असिम्टोमॅटीक कोवीड दुयेंतीनी होम आयझोलेशनात रावपा बाबतीत एसओपी

ता. 24 जुलय 2020

भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालयान खुप सौम्य लक्षणां आशिल्ल्या/प्रिसिम्टोमॅटीक/असिम्टोमॅटीक कोवीड दुयेंतीनी होम आयझोलेशनात रावपा बाबतीत नवीन मार्गदर्शक तत्वां जारी केल्यात. खंयच्याय असिम्टोमॅटीक व्यक्तीन होम आयझोलेशनात रावपा खातीर संबंदीत जिल्हाधिकारी/उपजिल्हाधिकारी हांकां कार्यालयाच्या ई-मेल आयडीचेर ई-मेल धाडून आपल्याक होम आयझोलेशनात रावपाक परवानगी दिवची अशी विनंती करपाक जाय. अर्जा वांगडा जोड पुरवणीतल्यान सेल्फ आयझोलेशनाचेर अंडरटेकींग दिवपाक जाय. अंडरटेकींगा सयत अर्ज स्विकारले उपरांत जिल्हाधिकारी/उपजिल्हाधिकाऱ्यान तो अर्ज ती व्यक्ती ज्या वाठारात रावता त्या क्षेत्राच्या संबंदीत वैजकी अधिकाऱ्याक धाडपाक जाय. वैजकी अधिकारी त्या व्यक्तीची भलायकी तपासतलो आनी योग्य दिसल्यार होम आयझोलेशनाची शिफारस करून अर्ज परत जिल्हाधिकारी/उपजिल्हाधिकाऱ्याक धाडटलो. वैजकी अधिकाऱ्याची शिफारस स्विकारले उपरांत जिल्हाधिकारी/उपजिल्हाधिकारी त्या व्यक्तीक भलायकी खात्याच्या सल्ल्याप्रमाण थळाव्या वैजकी अधिकाऱ्याक भलायकीविशीं म्हायती दिवपाची अट घालून होम आयझोलेशनाक परवानगी दितलो. त्या व्यक्तीक होम आयझोलेशना खातीर दिल्ल्या परवानगीविशी संबंदीत पंचायत/नगरपालिकेक कळोवपात येतले. ही म्हायती मेळ्ळे उपरांत ग्रामपंचायत/नगरपालिका त्या व्यक्तीच्या घराचेर कुटुंब होम आयझोलेशनात आशिल्ल्याचे कळोवपी स्टिकर चिकटायता. प्रत्येक जिल्हाधिकारी/उपजिल्हाधिकाऱ्यान होम आयझोलेशनात आशिल्ल्या व्यक्ती खातीर वेगळो रजिस्टर दवरपाक जाय. होम आयझोलेशनात आशिल्ल्या व्यक्तींची तालुकावार म्हायती सांजेच्या 4.00 वरांमेरेन संबंदीत जिल्हाधिकाऱ्याक व्हॉटसेपावयल्यान दिवपाक जाय. होम आयझोलेशनात आशिल्ल्याचेर सतत देखरेख दवरपाक जाय. होम आयझोलेशनाचे नेम मोडचे ना हे खातीर ग्रामपंचायत/नगरपालिकेन होम आयझोलेशनात आशिल्ल्या व्यक्तींचेर देखरेख दवरपाक जाय

म्हा /सप/ ऑपे/ विगां/ 2020/409

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA